Panaji Regional 12th April 2025 7.25am

Rashmi - 104

गोंय विद्यापिठाची शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाळा मराठी अध्ययन शाखा आनी  आनी महाराष्ट्राची राजारामबापु पाटील ललित कला अकादमीच्या जोडपालवान काल  लोकनेता राजारामबापु पाटील राष्ट्रीय ललित कला सन्मान पुरस्कार भेटवण सुवाळ्याची कार्यावळ गोंय विद्यापिठात जाली.

ह्यावेळार गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हे मुखेल सोयरे म्हण  हाजीर आशिल्ले. तांच्या हस्तुकी मराठी साहित्यकार डोक्टर रमेश वरखडे हाका मराठी साहित्यातल्या योगदानाखातर जीवनगैरव पुरस्कार, जाल्यार गोंयचे प्राचार्य अनिल सामंत हांका  मराठी साहित्य लेखन आनी मराठी भाशा प्रसाराखातीर विशेश पुरस्कार फावो जाला. हे शिवाय  मराठी साहित्यिक  प्रकाश जडे मंगळवेढा ,अभिराम भडकमकार, डोक्टर मिनाक्षी पाटील हांका पुरस्कार दील्यात.

हया कार्यावळीक  महाराश्टआतले नामनेचे सामाजिक  वावुरपी तशेंच  राजकीय फुडारी हाजीर आशिल्ले.

Shripad Naik – 110

पेन्ह दी फ्रान्स, Salvador do Mundo ,भिरोंडा ह्या तीन गावांक  उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक हांणी  खासदार निधीतल्यान हर्स वेनी दील्या. ही कार्यावळ पणजे पर्यटन भवनात काल  जाली. ह्यावेळार पर्येच्यो आमदार देविया राणे,तशेंच उत्तर गोंय जिल्होधिकारी स्नेहा गीते हाजीर आशिल्ली.

ह्या फुडे पंचातीकडल्यान जर मागणी येत जाल्यार पंचायतीक कोयर व्हरपाक लागपी वॅन दिवपाक यत्न करतले अशे खासदार श्रीपाद नायक हांणी म्हणला. सुमार  30 लाख रुपया एक अश्यो तीन हस्र वेन्ही काल खासदार निदीतल्यान दिल्या अशी म्हायती श्रीपाद नायक हांणी दिल्या.खासदार निधीतल्यान मेळिल्लया आवश्यक  मजतीतल्यान  गोंयच्या उदरगतीक  मोट्या प्रमाणात हातभार लागता, हाका लागुन विकसित भारता बरोबर विकसीत गोंय करपाची मोख  निश्चीतुच बेगोबेग साध्य जातली अशे मत आमदार देविया राणे हाणी ह्यावेळार उलयतना व्यक्त केला.

Dhavlikar – 100

केंद्रान 2030 मेरेन 500 GW हरीत उर्जा मेळोवपाचें लक्ष्य थारायलां,राज्याची चालू आशिल्ली सौरउर्जेची प्रगती मतींत घेतल्यार गोंय 2029 मेरेन हरीत उर्जा साध्य करतलें असो विस्वास वीज खात्याचे मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी व्यक्त केलां.

गोंय वीज खात्यान गोंयच्या उर्जा कार्यक्षमताय ब्युरोच्या जोडपालवान काल गोंयभरांतल्या आंगणवाडींक इंडक्शन कुकटॉप वांटल्यात. सुरवेक 650 जणांक हयो लायतीच्यो शेगड्यो दिल्यात. फुडारात उरील्लया अंगणवाड्यांक त्यो दितले अशी म्हायती मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी दिल्या.गोंयांक वर्सुकी 650 मॅगा वॅट वीज लागता, मात आता हे प्रमाण वाडला, सध्या 850 मॅगा वॅट चेर हे प्रमाण पावला, अंदु ह्या मागणेत आनीक 50 मॅगा वेटची मागणी वाढल्या अशी म्हायती मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी दिल्या.

BJP – 35

गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांच्य फुडारपणाखाला काल भाजपाचे शिश्टमंडळान मुखेल वेंचणुक आयुक्त रमेश वर्मा हांची भेट घेतली. ह्यावेलार दोमादर नायक हांणी बेकायदेशीरपणान नोंदणी जाल्या मतदारांक मतदान नोंदणी वळेरीतल्यान काडुन उडोवची अशी मागणी वेंचणुक आयुक्ताकडे केल्या.

--------------------------------------

तापमान 30

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज गोयांत कमाल तापमान 35 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाल्यार किमान २६ डिग्री सेल्सिअस इतले आसतले. फुडले ७ दीस चडांत चड तापमान ३५-३६ सेल्सिअसच्या मजगति आसपाची शक्यता आसा.

-----------------------------------------

IPL - 50

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सर्तींत काल रातीं चेन्नयत जाल्ल्या खेळांत कोलकाता नाइट रायडर्सान यजमान चेन्नय सुपर किंग्साक आठ विकेटींनी हारयलो. आयज लखनौंत दनपरा साडे तिनांक लखनौ सुपर जायंटस गुजरात टायटन्सा आड खेळटलो जाल्यार सांजवेळार साडे सातांक हैदराबादांत जावपा आशिल्ल्या दुसऱ्या मॅचींत पंजाब किंग्स आनी सनरायझर्स हैदराबाद पंगडा मदि खेळ जातलो.